गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

ई-मेलः sec-gpsc.goa@nic.in संकेतथळः goapsc.gov.in

## जायरात क्रमांक 11, वर्स 2017

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 24.11.2017 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो सुचोवण्यो जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार , गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "सुचोवण्यांत" नमुद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

### I. गोंय वैजकी महाविद्यालय

**1. फिजिओलॉजी सहाय्यक व्याख्याती (Assistant Lecturer in Physiology) .... 1 पद**

**वेतन श्रेणी: रु.** 15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II त (सनद पात्रताय सोडून) आस पावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसर्‍याप परिशिश्टाच्या भागII प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी

मंडळ कायदो, 1956 च्या कलम 13 (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय क रूंक जाय. ( ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** i) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी खातीर नोंदणी. (ii) मराठीचें गिन्यान.

## <u>II. गोंय दांत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल</u>

**<u>2. व्याख्याते:</u>**

**<u>(i) कन्झरवेटिव्ह डॅण्टिस्ट्री आनी एनडोडॉनटीक्स ( Conservative Dentistry and Endodontics)</u>. ..........1 पद**

**<u>(ii) पॅडोडॉनटिक्स आनी प्रिवॅण्टिव्ह डॅण्टिस्ट्री (Pedodontics and Preventive Dentistry</u> .........1 पद**

**वेतन श्रेणी: रु.** 15,600-39,100+5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16 ) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:–** i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. iii) मराठीचें गिन्यान.

## <u>III. शिक्षण संचालनालय</u>

**3. <u>सहाय्यक शिक्षण संचालक</u>** …… **3 पदां [1 पद शारिरीक अपंगुळाक राखीव (अस्थिरोग अपंगूळ - खंयचोय एक पाय/ एक खांदो)]**

**वेतन श्रेणी: रु.** 15,600-39,100+7,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 1 **2** प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणीची मास्टर्स पदवी वा तत्सम. (ii) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान शिकोवप / शिक्षणाची पदवी वा तत्सम. (iii) खंयचेय शाळेंत / उच्च माध्यमीक शाळेंत वा शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेंत जापसालदार प्रशासकी क्षमतेच्या कामाचो उण्यांत उणो 3 वर्सांचो अणभव आसपावीत आशिल्लो 10 वर्सांचो अणभव. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:**– i) मराठीचें गिन्यान. ii) **उच्च** माध्यमीक शाळेच्या प्राचार्य पदाचो अणभव.

## IV.कारखानो आनी वाफक निरिक्षणालय

4. <u>रसायनशास्त्रज्ञ</u> **(Chemist) .......................................1 पद**

**वेतन श्रेणी**: रु. 9,300-34,800+4200 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यक:** i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठाची ऍनालिटीकल रसायनशास्त्र (Analytical Chemistry) / भौतीक रसायनशास्त्र (Physical Chemistry) / इनऑर्गेनीक रसायनशास्त्र (Inorganic Chemistry) पदवी वा तत्सम. ii) उद्देगीक आरोग्यशास्त्र आनी तत्सम विशयाच्या क्षेत्रांत 2 वर्सांचो अणभव. iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिक:** मराठीचें गिन्यान.

## V. गोंय वास्तुशास्त्र महाविद्यालय

5. **<u>प्राचार्य:</u> ................................1 पद**

**वेतन श्रेणी**: रु. 37,400-67,000+10,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 14 प्रमाणें) + रु. 3000/- दर म्हयन्यांक विशेश भत्तो.

**पिराय-** 50 वर्सां परस उणी

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:**

**आवश्यकः** (i) वास्तुशास्त्र ह्या विशयांत बॅचलर्स आनी मास्टर्साची प्रथम श्रेणीची वा तत्सम पदवी, खंयचीय बॅचलर्स वा मास्टर्स पदवी. ( ii) योग्य त्या क्षेत्रांत पीएच. डी वा तत्सम . (iii) शिकोवप /संशोधन /उद्देग हातूंत उण्यांत उणो 10 वर्सांचो अणभव तातूंत 3 वर्सांचो प्राध्यापक स्तराचो अणभव आसल्यार बरें. वा (iii) शिकोवप /संशोधन /उद्देग हातूंत उण्यांत उणो 13 वर्सांचो अणभव.

*टीपः (1) संशोधन अणभव आसल्यार, बरी शिक्षणीक कामगिरी आनी पुस्तक / संशोधन पेपर प्रकाशन / आयपीआर / पेटण्ट हातूंत निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यतायेची आवश्यकता जाय. जरी उद्देगीक अणभव विचारांत घेतल्यार, ते निवड समितीच्या तज्ञ वांगड्या वरवीं मानद योग्यताय आशिल्ल्या योजनाबद्ध / आरेखन, उदरगत, योजना, कार्यपालन, विश्लेशण, गुणवत्ता नियंत्रण, नविनीकरण, प्रशिक्षण, तकनिकी पुस्तकां / संशोधन पेपर प्रकाशन / आयपीआर / पेटण्ट आनी हेर हातूंत सक्रीय वांटो घेतिल्ल्या सयत प्राध्यापक स्तरा समान वेवस्थापकी स्तर आसतले.*

*टीपः (2) वास्तुशास्त्रा संबंदीत, वास्तुशास्त्र मंडळान प्रमाणीत केल्ली 10 वर्सांची वेवसायीक तालीम वैध धरतले.*

iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छिकः**– i) पीएच.डी च्या विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन आनी पीएच. डी उपरांतचें प्रकाशन केल्लें आसपाक जाय. ii) मराठीचें गिन्यान.

*******************************************************************************************

## <u>कळोवणी</u>

वाणिज्य कर आयुक्तांच्या कार्यालयांत वाणिज्य कर अधिकारी पदां खातीर संगणक आदारीत भरती चांचणी (जायरात क्रमांक. 9, वर्स 2017) 26 .11. 2017 क थारायल्या. पात्र उमेदवारां क हॉल तिकेट आनी परिक्षा केंद्रांची माहिती बेगीनूच एसएमएस आनी ई-मेला वरवीं कळीत करतले. संगणक आदारीत भरती चांचणी खातीरचो अभ्यासक्रम आयोगाचे वॅबसायटीचेर 17 .10.2017 वेर अपलोड केला.